

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ७ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ आतां घेवन फाटले कथेचो सांगात । भक्तीभावान करुया याद । देवूळ जिर्णोद्धाराचे बाबतींत । तळमळ कितली बाबांक ॥१॥ दुसऱ्यां खातीर कशे कश्टत । कशे भक्तांक सांबाळीत । तांचे खातीर कशे कूड झरयत । सोंशीत दुख्खांय भक्तांचीं ॥२॥ समाधी अवस्थेंत खंडयोग । धोती पोती असले प्रयोग । केन्ना हातपांय शीर [1]वियोग । केन्ना परत आदले सारकेच ॥३॥ हिंदू म्हणल्यार दिसताले मुसलमान । यवन म्हणपाक गेल्यार हिंदू सुलक्षण । असो हो अवतार विलक्षण । करतलो कोण स्पश्टीकरण ॥४॥ जात हिंदू काय मुसलमान । थाव लागलो ना मात्त पसून । दोनांय जातींची एकेच भशेन । आसली तांची वागणूक ॥५॥ परब हिंदूंची रामनम । करताले स्वता आपूण । सभामाटवांत पाळणें बांदून । घेताले करून कथा किर्तन ॥६॥ चौकांत मुखार पाळणें बांदून । करून घेताले रामकिर्तन । तेच राती उरुसाची मिरवणूक काडात म्हणून । दिताले आदेश मुसलमानांक ॥७॥ जमोवन जमतात तितले मुसलमान । उरसाची मिरवणूक काडून । दोनूय उत्सव तितलेच उमेदीन । घेताले करून खोसयेन ॥८॥ येतकूच रामनमीचो दीस । कुस्त्यो खेळोवपाची भोव खोस । घोडे तोडे पगड्यो बक्षीस । दिताले खोसयेन सगल्यांक ॥९॥ गोकुळाश्टमीचो सुवाळो । करून घेताले गोपाळकालो । तसोच जेन्ना ईद येतालो । पडटाले नमाज मुसलमान ॥१०॥ एकदां मोहरमा

---

१. ताटातूट.

निमतान । मशिदींत आयले कांय मुसलमान । म्हणपाक लागले [1]डोली करून । काडची मिरवणूक गांवांत ॥११॥ आज्ञा दितांच डोली जाली । चार दीस दवरुंकूय दिली । पांचव्या दिसा सकयल काडली । ना मनाक सूख दुख्ख ॥१२॥ [2]अविंध म्हणपाक गेल्यार तोपल्यात कान । हिंदू म्हणटले जाल्यार [3]सुंता भशेन । असो न्हय हिंदू न्हय मुसलमान । अवतार पावन श्रीसाईंचो ॥१३॥ हिंदू म्हणचें जरी तांकां । मशिदींत सदांची रावतिका । मुसलमान म्हणचें जाल्यार तांकां । होमखण दीसरात मशिदींत ॥१४॥ मशिदींत दांत्या वयलें दळण । मशिदींत घांट-शंख वादन । मशिदींत होम हवन । आसतले कशे ते मुसलमान ॥१५॥ मशिदींत सदांच भजन । मशिदींत प्रसाद जेवण । मशिदींत अर्घ्य-पाद्य-पुजन । आसतले कशे ते मुसलमान ॥१६॥ म्हणची जरी उणाक जात । ब्राह्मणां भशेन पुजा करीत । अग्निहोत्री लोटांगणाक येत । सोडून अभिमान सोवळ्याचो ॥१७॥ अशे लोक विस्मीत मनांत । अणभव घेवपाक जे जे येत । तेय तशेच स्वता वागत । तोंडां बंद पडटालीं दर्शनान ॥१८॥ जो सदांच हरीक शरण । ताका कसो म्हणचो हिंदू वा मुसलमान । आसूं शुद्र वा जातीवीण । ज्ञाती ही प्रमाण न्हय कुस्कूटभर ॥१९॥ जांकां ना कुडीचो अभिमान । आसूं हिंदू वा मुसलमान । सगल्यांक मानीत एकसमान । तांकां ना भेदभाव जातीचो ॥२०॥ फकिरा सांगातान मासाचें जेवण । वा खाता नुस्तें सहजपणान । ताटांत तोंड घालें जरी सुण्यान । तरीय विटना मन जांचें ॥२१॥ पिकिल्ल्या धान्यांतलें थोडें काडून । शेतकार दवरता पोटलेक बांदून । फुडल्या वर्सा जर जालें लुकसाण । मेळचें म्हणून तें वापरपाक ॥२२॥ तशेंच सांबाळिल्लें गंवाचें पोतें । दळपाक मशिदींत आसतालें दांतें । सूप धरून सगलें कितें । नासलो उणाव कित्याचोच ॥२३॥ सोबतालें सभामाटवांत । तुळशीचें पेड सोबीत ।

---

१. ताजा, पालखी, ताबूत. २. कान तोपूंक नाशिल्ले. ३. मुसलमानांचो एक धर्मविधी.

कुशीकूच [१]रथाची प्रतिकृती सोबीत । कोरांतिल्ली लांकडाची ॥२४॥ आशिल्लें थोडेंभोव पुण्य गांठीक । म्हणुनूच ह्यो सद्वस्तू दिसल्यो दोळ्यांक । अशे भावनेन मानात सूख । तुटचो ना संबंध मरसर ॥२५॥ फाटल्या जल्माचें भाग्य संचीत । तातूंतल्यानूच आयले हे पांय हातांत । मेळ्ळी मनाक शांती उपाट । समाधान प्रपंचातूय ॥२६॥ फुडें कितलोय जालों जरी सूखसंपन्न । मेळचें ना हें सूख परतून । श्रीसाईंचो सांगात मेळून । जालों धन्य धन्य हांव ॥२७॥ साई चिद्घन मुर्ती स्वानंदाची । कशी वर्णूं नवलाय तांची । शरण चरणांचेर वचणाऱ्याचीं । दुख्खां वचून जातलें कल्याण ॥२८॥ [२]अजीन-दंडधारी तपस्वी । हरिद्वारादीं [३]तिर्थावासी । तरातरांचे संन्यासी । येताले त्यागी कश्टी अनेक ॥२९॥ चलता उलयता हांसता उदंड । जिबेर 'अल्ला मालिक' अखंड । आवडनासले वाद वितंड । लागीं [४]दंड सदांच ॥३०॥ तपस्वी वृत्तीचो शमी दान्त । तोंड पाठ पूर्ण वेदांत । कोणाकूच लागलोना अंत । निमाणे मेरेन श्रीसाईंचो ॥३१॥ राव आसूं वा रंक । न्याय एकूच सगल्यांक । लक्ष्मीपूत वा भिकारी [५]खंक । माप सगल्यांक एकूच थंय ॥३२॥ कोणाचें बरें वायट कर्म । जाणटाले भितरलें मर्म । सांगून दिताले खूण वर्म । अजाप परम भक्तांक ॥३३॥ जाणपणाची ती सांठवण । नेणतपणाचें पांगरूण । मानसंपादनांत नासलो [६]शीण । अशें लक्षण श्रीसाई ॥३४॥ कूड जरी मनशाची । करणी अपूर्व देवाची । शिरडींत प्रत्यक्ष देव मानून हांची । पुजा करीत लोक

---

१. हो एक सोबीत, कोरांतिल्लो लांकडी रथ शिरडीचे मशिदीच्या माटवांत आसता. इंदूरचे बाबांचे आवडटे भक्त रा. बाळासाहेब रेगे, दाजीसाहेब अवस्थी आनी हेरांनी उत्सवाच्या दिसा गांवांत मिरवणूक काडपा खातीर संस्थानाक ओंपिल्लो. २. हरणाचें चामडें वापरपी. ३. तिर्थांचेर रावपी. ४. हो दांडो म्हणल्यार हात-देड हात लांब आनी आखाण्या येदो जाड असो गडगंज काळ्या लांकडाचो सटको. जो बाबां कडेन सदांच आसतालो. मशिदींतल्यान चावडेत वतना आनी थंयच्यान परत येतना बाबा एका हातान आपली चिलीम तशेंच तंबाकुची पुडी आनी दुसऱ्या हातान हो सटको आसतालो. ५. खांकनवाळ. ६. खेद.

भक्तीन ॥३५॥ कितले बाबांचे चमत्कार । कितले वर्णूं हांव पामर । देव देवळांचेय जिर्णोद्धार । घेतले करून तांणी अनेक ॥३६॥ शिरडीक तात्या पाटलाचे हस्तुकीं । शनी गणपती शंकर पार्वती । ग्रामदेवी आनी मारुती । हांकांय हाडले सुस्थितींत ॥३७॥ लोकां कडल्यान दक्षणा म्हणून । बाबा घेताले जे पयशे मागून । धर्मकार्याक कांय खर्च करून । उरिल्ले तशेच दिताले ते ॥३८॥ कोणाक दीसपट्टे रुपया तीस । कोणाक धा पंदरा पन्नास । अशे जशे मनाक येत । वांट्टाले व्हड खोसयेन ॥३९॥ हो सगलो धर्माचो पयसो । घेवप्याकूय पूर्ण भरवंसो । वापरूय जावचो तसो । हीच इत्सा श्रीसाईंची ॥४०॥ आसूं, अनेकांचें जालें दर्शनान भलें । बऱ्याच दुश्टांचें कल्याण जालें । अनेकांचे कुश्ट पसून गेलें । पावले बऱ्याक कितलेशेच ॥४१॥ घालिनासतना काजळ पालो रोस । कितल्याश्याच कुड्ड्यांक लागलें दिसपाक । थोंटे पसून लागले चलपाक । लागतकूच चरणांक श्रीसाईंच्या ॥४२॥ म्हयमा तांचो अनिवार । कोणाक लागनासलो तांचो पार । भक्त वाडपाक लागले अपार । चारूय वटयां गर्दी व्हड ॥४३॥ धुनी कडेन जंय बसताले । सगले विधी थंयच करताले । केन्ना न्हाताले केन्ना न्हायनासले । सदां ध्यानांत मग्न जे ॥४४॥ तकलेक धवें पागोटें खास । नितळ धोतराची मारीत कास । आंगांत सदरो वा खोमीस । भेस असो सुरवातीक ॥४५॥ सुरवातीक वैजकी करीत गांवांत । पळोवन पळोवन वखद दीत । हातगुणान वखदूय पारत । पावली नामना सगल्याक ॥४६॥ एकदां एका भक्ताचे दोळे । सुजीन जाले तांबडे गुळे । दोनूय रक्तान भरले । मेळना जाले वैज शिरडींत ॥४७॥ भक्त बावडे भावीक भोळे । बाबांक दाखयले ताचे दोळे । बिबे धाडावन केले गुळे । रोखडेच त्या वेळार श्रीसाईंनी ॥४८॥ कोणें घाल्ल्यो सुरम्याच्यो काडयो । कोणें गायच्या दुदाच्यो घडयो । कोणें थंड कापराच्यो वडयो । दिल्ल्यो पुडयो काजळाच्यो ॥४९॥ बाबांचो तो उपायूच आगळो । स्वता उखलून एकेक गुळो । चिड्डून

भरलो एकेक दोळो । बांदलो कपडो भोंवतणीं ॥५०॥ दुसऱ्या दिसा पट्टी सोडली । वयर उदकाची धार धरली । सूज पुराय निवळिल्ली । बिबळां जाल्लीं नितळ ॥५१॥ दोळ्यां असलो नाजूक भाग । तरीय लागलोना बिब्याचो हुलप । बिब्यानूच घालयलो दोळ्यांचो रोग । अशे अणभव अनेक ॥५२॥ धोती पोती हातूंत पारंगत । हळूच वताले सुवातेर एकांत । न्हाण घेतना आंतकड्यो ओंकीत । घालताले धुवन त्यो सुकपाक ॥५३॥ मशिदी कडल्यान बांय एक । तितलोच मुखार वड एक । ताचेय मुखार बांय आनीक । वताले थंय पयऱ्यान ॥५४॥ भर दनपारच्या रखरखान । आडेकडेक सामसूम पळोवन । स्वताच बांयचें उदक काडून । तोंड धुयताले पुसताले ॥५५॥ आसूं, असोच प्रसंग एक । बशिल्ले आसतना न्हावपाक । आंतकड्यो काडून धुवपाक । लागले बाबा ताकतिकेन ॥५६॥ बोकडो मारतकूच आंतकडी काडून । आरतीपरती उरफाटी करून । घालतात घडयेर घडी धुवन । करतात नितळ निवळ ॥५७॥ तेच तरेन आंतकड्यो काडून । भायर भितरल्यान नितळ करून । सोडल्यो जांब्याच्या झाडा वयल्यान । अजापले पळोवन लोक भोव ॥५८॥ जांणी हें प्रत्यक्ष पळयलें । कांय जाण तांचे मदले । म्हजे कडेन हें उलयले । म्हणटाले ही [१]वल्लीच आगळी ॥५९॥ केन्ना खंडयोग लायताले । केन्ना हातपांय वेगळे काडटाले । अशे मशिदींत आसताले । पडिल्ले अवयव आडेकडेक ॥६०॥ विस्कळीत अशी कूड करीत । भिरांकूळ तो देखाव दिसत । पळोवपाक लोक धांवत । पूण बाबा दिसताले अखंड ॥६१॥ पळोवन एकदां असो प्रकार । पळोवप्याक सुटलो थरथर । कोणें दुश्टान अत्याचार । करून मारले बाबांक ॥६२॥ मशिदींत अस्ताव्यस्त सगल्याक । दिसले पडिल्ले अवयव नदरेक । रात मध्यान ना कोण कुशीक । उपरासली भिरांत मनांत ॥६३॥ प्रकार कोणाकूय जर सांगीत ।

१. साधू, स्वता इत्से प्रमाण वागपी.

बगलांट येवपाची भिरांत । असो विचार करून मनांत । बसलो वचून भायर तो ॥६४॥ साईच कितें तरी करीत असलें । हें ताच्या मनांतूय नासलें । पळोवन पातळिल्ले अवयव सगले । थरथरलें ताचें काळीज ॥६५॥ कोणाक तरी सांगचो प्रकार । मनांत येतालो असो विचार । पूण आपुणूच थारतलों गुन्यांवकार । पयली खबर दिवपी म्हणून ॥६६॥ म्हणुनूच सांगलेंना कोणाक । आयल्यो मनांत कल्पना अनेक । तरीय परत गेलो पळोवपाक । अजापलो पळोवन भलतेंच ॥६७॥ आदलें थंय कांयच नासलें । बाबा सुसेगाद आसनाचेर बशिल्ले । आपणाकूच घडये हें अशें दिसलें । अजापलो भोव तो मनांत ॥६८॥ धोती पोतीचे योग असले । ल्हानपणांतल्यानूच कळटाले । पूण गूढगती ती ना कोण वळखले । योगस्थिती श्रीसाईंची ॥६९॥ लायलोना हात कोणाच्या पयशांक । गुणांनीच पावले नामनेक । दिली भलायकी गरीब दुबळ्यांक । गाजले वैज म्हूणन ॥७०॥ हकीम हो तर फकत [१]परार्थ । नासलो तातूंत आपसुवार्थ । ओंपली जीण लोककल्याणार्थ । सोंसून हालअपेश्टा स्वताक ॥७१॥ ह्याच अर्थाची आगळी कथा । श्रोत्यांनो तुमकां सांगतां आतां । कळटली बाबांची व्यापकता । तशेंच मनाचें व्हडपण तांच्या ॥७२॥ वर्स एकुणीसशें धांत । दिवाळेचे धनत्रयोदशी दिसाच । बाबा सहज धुनी कुशीकूच । बशिल्ले जाळीत लांकडां ॥७३॥ पेट्टाली धुनी रखरखून । दोनूय हात उज्यांत घालून । बशिल्ले बाबा शांत मनान । भाजले हात तरीय ॥७४॥ माधव नांवाचो तांचो सेवक । लक्ष गेलें ताचें आपसूक । [२]देशपांडेय आसले लागींच । आयले धांवत आकांतान ॥७५॥ वचून बाबांच्या फाटल्यान । भेंडाक वेंग मारून । ओडले तांकां फाटीं नेटान । विचारलें पळोवन मागीर ॥७६॥ हाय [३]देवा हें कितें केलें । आवाजान त्या बाबा भानार आयले । ‘‘एक भुरगें रे हांडी वयल्यान

१. दुसऱ्याची संपत्त. २. माधवराव. ३. बाबांक तांचे भक्त ‘देवा’ म्हूण उलो मारताले.

पडलें । निसरून अचकीत भट्टेंत ॥७७॥ घरकाराचो उलो आयकून । धवडाची घरकान्न भिरांतीन । भुरग्याक हांडीर धरून । चलयताली भातो भट्टेचो ॥७८॥ लक्ष अचकीत चुकली । भुरग्याक आपल्या विसरली । हाताची पकड सैल जाली । पडलें भुरगें तें भट्टेंत ॥७९॥ काडपाक त्या भुरग्याक गेलों । जाल्यार हो प्रकार घडलो । हुलपुंदी हो हात मेलो । वाटावलो जीव त्या भुरग्याचो'' ॥८०॥ दुखणें आतां ह्या हाताचें । कसल्या उपायांनी घालोवचें । चांदोरकरांक पत्र धाडचें । थारायलें माधवरावान ॥८१॥ पत्र बरयलें सविस्तर । 'परमानंद' नामनेचो डॉक्टर । घेवन तांकां [1]बरोबर । आयले चांदोरकर शिरडीक ॥८२॥ जळजळ थांबोवंक उपेगी पडटलीं । अशीं वखदां वांगडा हाडलीं । नानांनीय ताकतीक केली । धांवले बाबां कडेन ॥८३॥ करून साईंक नमस्कार । घेतली तांची खबर । विचारलो घडिल्लो प्रकार । सांगलो हेत येवपाचो ॥८४॥ हात भाजिल्लो तेन्नाच्यान । भागोजी शिंदे तूप चोळून । पट्ट्यो बांदताले आंवळून । बांदून पान दीसपट्टे ॥८५॥ तो हात सोडोवन पळोवचो । परमानंदांक दाखोवचो । वखद उपचार सुरू करचो । गूण पडचो बाबांक ॥८६॥ धरून ही आस मनांत । नाना बाबांक नमळायेन सांगीत । परमानंदूय यत्न करीत । पट्ट्यो सोडून पळोवपाचो ॥८७॥ आयज फाल्यां करून करून । वैज आपलो अल्ला म्हणून । दिलोना हात पळोवंक पसून । नासली खंतूय ताची मनांत ॥८८॥ हाडिल्लें वखद जें परमानंदान । लागलोना ताका वारो पसून । ताका मात ते निमतान । घडलें दर्शन श्रीसाईंचें ॥८९॥ नित्य सेवा भागोजीचीच । तांणीच चोळचो हात सदांच । पडलो गूण उपचारांनी त्याच । जाली खोस सगल्यांक ॥९०॥ असो बरो जालो जरी हात । कळनासल्यो बाबांक कसल्यो कळा येत । त्या सकाळच्याच वेळार ज्युस्त । सुवाळो पट्ट्यांचो

---

१. वांगडा

**दीसपट्टो ॥९१॥ नासतना हाताक त्रास कसलेच । कारणा बगर ताचो सांबाळ सदांच । [1]धृतमर्दन निष्पीडन देखरेख सदांच । जिवे आसा मेरेन चलयली ॥९२॥ ही उपासना भागोजीची । साईसिद्धाक ना गरज जिची । भागोजीक घडयताले नित्यनेमाची । आवड भक्ती कामाची ॥९३॥ आदल्या जल्माचे महादोश । भागोजीचे सोंपले कुश्ट–क्लेश । मात ताचें भाग्य विशेश । मेळ्ळो सांगात श्रीसाईंचो ॥९४॥ व्हाळाचेर जाताली फेरी । भागोजी बाबांचेर तरंग धरी । महारोगी आसलो जरी । मान पयलो ताकाच ॥९५॥ धुनी कुशीकच्या खांब्या कडेन । बाबा सकाळीं उठून । बसताले शांत चित्तान । तेन्नाय आसतालो भागोजी सेवेक ॥९६॥ हातांपांयांच्यो पट्ट्यो सोडोवप । थंयच्यो शिरो रगडप । मागीर तांचेर तूप चोळप । अशी आसताली सेवा ताची ॥९७॥ फाटल्या जल्माचो महापापिश्ट । आंगभर भरलें रक्तकुश्ट । भागोजी शिंदे महापिडेस्त । तरीय भक्त वरिश्ठ बाबांचो ॥९८॥ कुश्टरोगान बोटां शेणलीं । घाण पुराय आंगाक सुटली । अशी जाची जीण विटली । मेळयतालो पुण्य हे [2]सेवेंतल्यान ॥९९॥ कितल्यो म्हणून सांगूं**

---

१. तूप चोळप. २. सेवा करपाक कोणूय आयले जाल्यार बाबांनी केन्नाच न्हयकार दिलोना. उरफाटें तांकां मोगानूच वागयले. एकदां एक महारोगी अस्तुरी बाबां कडेन आयली. महाराजांनी भीमाबाई नांवाचे मराठा अस्तुरेक तिका घरांत दवरपाक सांगली. भीमाबाईन म्हणलें, ''बाबा, तिका महारोग जाला न्हय? तिका म्हज्या घरांत कशी दवरूं?'' ताचेर बाबांनी म्हणलें, ''आगे, ती महारोगी आसली म्हण कितें जालें, ती म्हजी भयण. खाशेली भयण. तिका तुज्या घरा कडेन घेवन वच.'' अशें बाबांनी सांगतकच भीमाबाई तिका आपल्या घरा कडेन घेवन गेली. ते अस्तुरेक उपरांत त्याच घरांत मरण आयलें. अशेच बाळाजी पाटील नेवासकर हे एकदां आपल्या गांवाक वचपा खातीर परवानगी मागपाक लागले. महाराजांनी म्हणलें, ''तो दगडूभाऊ दुयेंत आसा. ताचेर लक्ष दवर.'' दगडूभाऊ हो जातीन मुसलमान कुश्टरोगी आसलो. पाटील सदांच ताच्या आंगांतले किडे काडटाले, न्हावपाक घालताले, अशें एक म्हयनो चल्लें. फुडें त्या दगडूभाऊक मरण आयलें. तेन्ना महाराजांनी पाटलाक गांवाक वचपाक परवानगी दिली.

श्रोत्यांक । लिला बाबांच्यो अनेक । गांवांत एकदां पातळ्ळो प्लेग । आयकात चमत्कार तेन्नाचो ।।१००।। दादासाहेब [1]खापर्ड्यांचो । पूत ल्हान पिरायेचो । आनंद साई सांगाताचो । घेतालो आपले आवय वांगडा ।।१०१।। पयलींच तो भुरगो ल्हान । आयलो जोर कडकडून । आवयचें काळीज कळवळून । जाली अस्वस्थ सामकी ।।१०२।। आयिल्ली ती उमरावतीच्यान । आयलें मनांत वच्चें परतून । सांजवेळार वेळ पळोवन । आयली आज्ञा मागपाक ।।१०३।। सांजवेळची भोंवडी करून । बाबा आयले वाड्या कडेन । अस्तुरेन वचून पांय धरून । सांगली खबर घडिल्ली ।।१०४।। आदींच बायलांची जात भिवकुरी । तातूंत पुताची थांबना शिरशिरी । प्लेगाची भिरांतूय भारी । सांगली खबर घडिल्ली ।।१०५।। बाबांनी म्हणलें शांत आवाजान । ''मळब आयलां पळय दाटून । पावस पडटलो उटंगारान । रोखडोच खिणा भितर ।।१०६।। भियेता कित्याक'' अशें म्हणून । दाखयली सगल्यांक उखलून । कफनी आपली भेंडा मेरेन । फुगिल्ल्यो गांठी तट्टटीत ।।१०७।। कोंबयेच्या तांतया येदे । चार फोड चारूय वटे । म्हणलें 'पळयात कशें पडटा भोगचें । संकश्ट म्हाका तुमचें' ।।१०८।। हें दिव्य आनी अलोकीक । कार्य पळोवन अजापले लोक । भक्तांचीं दुख्खांय कैक । भोगतात संत कशे तरेन ।।१०९।। मेणा परस मोव मन । जशें लोणी भायर भितरल्यान । भक्तांक निसुवार्ती प्रेम दिवन । भक्तूच जशे जांचे सोयरे ।।११०।। एकदां असो घडलो प्रकार । नानासाहेब चांदोरकर । गेले सोडून नंदुरबार । पंढरपूराक वचपाक ।।१११।। नाना भोव भाग्यशाली । साईंची सेवा फळाक आयली । भूवैकुंठ प्राप्ती घडली । मेळ्ळी मामलतदारी थंयची ।।११२।। येतकूच आदेश नंदुरबारांतल्यान । वचपाचें आसलें ताकतिकेन । लागले तयारेक नेटान । हेत मनांत दर्शनाचो ।।११३।। घरकान्नी सयत परिवार । जालो

१. गणेश श्रीकृष्ण खापर्डे -जे इंडिया सरकाराचे विधानसभा वांगडी आसले.

शिरडीक व्हरपाचो विचार । शिरडीच पयली पंढरपूर । करुया नमस्कार श्रीसाईंक ॥११४॥ ना कोणाक चीट धाडली । ना निरोप, खबर कळयली । सामान बांदून ताकतीक केली । बसले गाडयेंत रोखडेच ॥११५॥ अशे जे हे नाना गेले । नासतलें शिरडींत कोणाक कळ्ळें । पूण जाणलें साईंनी सगलें । नदर तांची सगल्याक ॥११६॥ नाना ताकतिकेन सरले भायर । पावले आसुंये निमगांवाचे शिमेर । इतल्यान घडलो चमत्कार । कसो तो आयकात शिरडींत ॥११७॥ बाबा आसले मशिदींत । म्हाळसापतीच्या सांगातात । आपा शिंदे काशिराम भक्त । करीत बशिल्ले गजाली ॥११८॥ इतल्यान म्हणलें बाबान । 'करुया चौगूय मेळून भजन । उगडल्यांत तीं पंढरीचीं दारां पळोवन । करुया भजन खोसयेन' ॥११९॥ साईंक पूर्ण त्रिकालज्ञान । कळ्ळी तांकां ही खबर पुरायेन । नाना शिमे वयल्या व्हाळा कडेन । आसतना भजनाचो उल्हास बाबांक ॥१२०॥

**(भजन)**

''पंढरपुराक वचपाचें वचपाचें । थंयच म्हाका रावपाचें ।
थंयच म्हाका रावपाचें रावपाचें । घर तें म्हज्या रायाचें ॥''

स्वता बाबा भजन म्हणीत । भक्त ताचो अणकार करीत । रंगताले पंढरीच्या प्रेमांत । इतल्यान पावले नानाय ॥१२१॥ घरकान्नी सयत धरले चरण । म्हणलें आतां आमच्या सांगातान । म्हाराजांनी पंढरपुरांत येवन । बसचें शांत सुसेगाद ॥१२२॥ नासली गरज विनंतीची । आदींच उल्हासवृत्ती बाबांची । पंढरींतलीच जशी भजनस्थिती तांची । लोक तांकां सांगताले ॥१२३॥ नाना भोव विस्मीत मनांत । पळोवन लिला ती अजापीत । माथें तांच्या चरणांचेर दवरीत । जाले सद्‌गतीत उपाट ॥१२४॥ घेवन तांचें आशिर्वचन । उदी प्रसाद कपलाक लावन । चांदोरकर

पंढरपुराचे वाटेन । सरले भायर वचपाक ॥१२५॥ अश्यो कथा सांगपाक गेल्यार । जातलो ग्रंथाचो व्हड विस्तार । म्हणून आतां हेरांचें दुख्ख निवार । करपी विशय हो आटपुया ॥१२६॥ सोंपोवया हो अध्याय आतां । अंत ना बाबांच्या चरित्रा । फुडल्या अध्यायांत हेर कथा । सांगीन स्वहिता खातीर हांव ॥१२७॥ हो हांवपणाचो अहंकारूच । जिरयतलों म्हणल्यार जिरना कसोच । कळना खात्रेन हांव कोण तेंच । सांगतले साईच कथा स्वताची ॥१२८॥ सांगतले मनीस जल्माची महती । सांगतले स्वताची भिक्षा वृत्ती । बायजाबायची ती भक्ती । स्थिती जेवणाखाणाचीय आपली ॥१२९॥ वांगडा घेवन म्हाळसापती । तशेच कोते तात्या, गणपती । बाबा कशे न्हिदत मशिदीं । आयकात कथा ती आगळी ॥१३०॥ पंत हेमाड साईंक शरण । म्हणून घेत भक्त-पांयांची व्हाण । ताका साईंची आज्ञा प्रमाण । जालें निरुपण इतलें मेरेन ॥१३१॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । 'विविधकथा निरुपण' नांवाचो हो सातवो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍